11th March 2026 7.25am

नमस्कार आकाशवाणी पणजीच्या

CM

गृह आधार आनी दयानंद समाजीक सुरक्षा येवजणे खाला, नव्यान नोंदणीकृत लावार्थ्यां सयत, पुराय गोंयांतल्या 2.24 लाखां वयर लावार्थ्यांच्या खात्यात काल 45 पूज्य 26 कोटी थेट जमा केल्यात, अशी म्हायती मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी दिली. आतां सावन दोनूय येवजण्यां खाला दिल्ल्या मजतीचें पयशे, दर म्हयन्याच्या 10 तारखे मेरेन कसलोच कळाव करिनासतना दितले, जाका लागून लावार्थ्यांक चड पारदर्शकता आनी सोयी मेळटल्यो, अशें मुखेलमंत्र्यान सांगलें.

मुखेलमंत्री अर्थसंकल्प - १७०

हे फुडें जीआयएस मॅपींग जाल्यार बगर रस्त्याच्या कामा खातीर निधीक मान्यताय मेळची ना, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां, मंगळारा राती अर्थसंकल्पावेल्या चर्चेक जाप दितना तांणा ही म्हायती दिली. गोंय विधानसभेत अर्थसंकल्पावेली चर्चा मंगळारा राती सोपली. गोंय मनीसबळ उदरगत म्हामंडळात ६ ते ७ हजार लोकांक नोकऱ्या दिल्या. हांका सरकारी नोकऱ्यां सयत खासगी कंपन्यांनी लेगीत नोकऱ्या दिवपाचे येत्न आसा. दयानंद सामाजिक येवजणेवरवी मेळपी लावात वाड जातली. दिवाडी मार्गाचेर पयली रो रो फेरी सुरू जातली. तशेच बालस्थ येवजणे खाला आशिल्यो पोरण्या बशींच्या जाग्यार नव्यो बशी घालतले. वालंकिणी हांगा यात्री निवास उबारपा खातीर सरकारान जाग्याची मागणी केल्यां, अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

रश्मी - १७५

विरोधी पक्ष फुडारी हांणी केरळ तशेंच कर्नाटक राज्यान ज्या प्रमाण, रानटी जनावरांचो उपद्रव थाबोवपपाखातीर खासा धोरण आखला ,तशेच धोरण गोंय सराकरान लेगीत आखचे अशी सुचोवणी केल्ली. त्या धोरणाची म्हायती घेवन, गोंयात तशा पध्दतीचे

धोरण चालीक लावंक मेळटले कांय ना, ताचो अभ्यास करता, अशे आस्वासन रान मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिला. रान खात्यावतीन राना वाठारात ५ ते ६ लाख फळांच्या झाडांची लागवड, तशेच उदकाचे स्त्रोत तयार केल्यात, अशीय म्हायती ह्यावेळार मंत्री राणे हांणी दिली.

## Eco tourism

Eco tourism च्या नावान येवपी प्रकल्प, इको टुरीझम धोरणाचे नेम पाळटात, काय प्रकल्प म्हण दाखोवन, हेर तऱ्हेचे प्रकल्प हाडटात. हाची तापसणी सरकरान करची. तशेच अशे प्रकल्प गावगिऱ्या वाठारात, लोकांची वस्ती आसा थंय येवचे न्ही, अशी मागणी कुडतरीचे आमदार आलेक्स रेजिनाल्ड लोरेंन्स हांणी केली. ह्या प्रस्नाक जाप दितना, Eco tourism धोऱण चालीक लावप, ही गोंयच्या पर्यटनाची गरज आसा, अशे मत पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी उक्तायले. गोंय फकत दर्यदेग पर्यटनापुरतेच मर्यादित ना. इको - टुरीझम हो गोंय पर्यटनातलो एक महत्वाचो पैलु, अशे पर्यटन मत्री खंवटे हांणी म्हणला. ह्यावेळार विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी, गोंयात येवपी पर्यटकांचो, येरादारी यंत्रणेचो, तशेंच पर्यावरण संवेदशील वाठारांविंशी पर्यवरण खात्याच्या जोडपालवान अभ्यास करचो, अशी सुचोवणी केली.

## पणजी महापालिका मतदान

पणजी महापालिका वेंचणुके खातीर आयज सकाळीं ८ ते सांजे ५ वरां मेरेन मतदान जातले. महापालिकेच्या ३० प्रभागांखातीर ६९ उमेदवार आसात. मतमेजणी १३ मार्चाक सकाळीं ८ वरांचेर डॉ. श्यामाप्रसाद मुखर्जी स्टेडियमार जातली. महापालिका वेंचणुकेंत १५ हजार २२५ दादले जाल्यार, १७ हजार २७१ बायलां मेळून वट्ट ३२ हजार ४९६ मतदार आसा.

क्रिकेट सर्त

गोंय विद्यापिठान घाडोवन हाडील्या आंतर महाविद्यालयीन क्रिकेट सर्तींत, पिलारच्या फादर अग्नेल महाविद्यालयाच्या पंगडांन जैत मेळयले. तांणी गोवा फिजियो-थेरपी महाविद्यालयाचेर 96 धांवड्यांनी जैत मेळयले.  दुसरे मॅचींत असगांवच्या आग्नेल इन्स्टिट्यूटान एस.आर.आय.ई.टी शिरोडा या पंगडाक, 68 धांवड्यांनी हारयलो. हे खेळ ताळगावच्या गोंय विद्यापिठाच्या मैदानाचेर घडोवन हाडले.

वेदर

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 33.1 अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 24.8 अंश सेल्सियस इतले नोंद जाला.

आणि इतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे, मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले आयज सांजे ७ जावन २० मिनटांचेर, नमस्कार